आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 28/06/2025    6.30 PM

भारतीय परंपरे कडेन तरणाट्यांक जोडपाकखातीर जैन ऋषीनी मोलादीक योगदान दिलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले ताणी आयज नवी दिल्लींत आचार्य विद्यानंद जी महाराजाच्या जल्मशती कार्यावळीचें उक्तावण केले . तशेच ताणी जैन मुनींच्या हस्तलिखीतांचे डीजीटायजेशन करपाविशीं म्हायती दिली. भारत ही संवसारांतली सगळयांत पुर्विल्ली जिवीत संस्कृताय आसा अशे ताणी सांगले. तशेंच ह्या निमतान ताणी एक खाशेलें यादस्तीक नाणें आनी टपाल तिकीट जारी केले . ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यानी म्हळा

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज गट कॅप्टन शुभंशु शुक्ला वांगड  संवाद सादलो. बिरेस्तारा अमेरिकेंतल्या फ्लॉरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्लाक व्हरपी ॲक्सियोम-4 चे प्रक्षेपण जालें.

खंयच्याय संविधानाची प्रस्तावना हो ताचो प्राण  आसता आनी तातूंत बदल करपाक मेळना अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हळा . भारत सोडून हेर खंयच्याय संविधानाची प्रस्तावना बदलूंक ना अशें तांणी सांगलें. प्रस्तावना हीच बुन्याद जाचेर संविधानाची उदरगत जाल्या अशे नवी दिल्लींत पुस्तक प्रकाशन कार्यावळींत तांणी सांगलें

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले.  आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

कोल इंडियाची उपकंपनी महानदी कोलफील्ड लिमिटेड ओडिशांत

3पूज्य 5 कोटी टन ताकीच्यो दोन नव्यो कोळसो खणी सुरू करतले अशी म्हायती एमसीएलाचे अध्यक्ष उदय काओले हांणी दिली.हेविशी आमच्या खबराकारान

शेती खातीर वापरिल्ल्या उदकाचेर कर लादपाची येवजण आसा हो दावो सरकारान न्हयकारला. "कमांड एरिया डेव्हलपमेंट आनी वॉटर मॅनेजमेंटाचें आधुनिकीकरण" ह्या नव्या येवजणे खाला कर घेवपा संबंदींची उलोवपां निराधार आनी फटीची आसात अशें जल शक्ति मंत्रालयान स्पश्ट केलां.

कोयर-उर्जा प्रकल्पांच्या कामगिरी वाडोवपा खातीर आनी बेगोबेग केंद्रीय अर्थीक मजत दिवपा हेतान अक्षय उर्जा मंत्रालयान सुदारीत मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. नव्या चौकटी खाला मंत्रालयान कागदपत्रां उणी करप, मान्यतायेची गरज सोपी करप अशो जायत्यो प्रक्रिया सोंप्यो केल्यात.

केंद्रीय सहकारी मंत्री अमित शाह ह्या म्हयन्यात नवी दिल्लींत राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यांच्या विचारमंथन बसकेची येजमानकी चलयतले .हातूंत सहकारी मळावेल्या उदरगतीचो नियाळ घेतले. तशेंच सहकारी क्षेत्र घटमूट करपाचें सामुहीक ध्येय साध्य करपा खातीर विचारांचे आदान-प्रदान जातले .

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज हावड़ा जिल्ह्यांतल्या संत्रगाची रेल्वे स्टेशना वयल्यान पुरुलिया-बांकूरा-हावरा प्रवासी रेल्वेक पाचवो बावटो दाखयलो . तशेंच अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला उदरगतीचो नियाळ घेतलो .

.

ऑल इंडिया फुटबॉल फेडरेशन फुडल्या म्हयन्याच्या 14 तारखेक नवी दिल्लीच्या फुटबॉल हाऊसांत एक विश्लेशण कार्यशाळा घडोवन हाडटा . पुराय भारतीय फुटबॉल प्रशिक्षक आनी विश्लेशकांची रणनिती आनी विश्लेशणात्मक कुशळटाय वाडोवपा हेतान ही कार्यशाळ आयोजित केल्या . इत्सूकानी 6 जुलय मेरेन एआयएफएफच्या संकेतथळार नोंदणीखातीर अर्ज करचे अशे आयोजकानि मागला.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 6 दिसांत मध्य महाराष्ट्र गुजरातांत कोंकण, आनी गोंयातल्या काय वाठारानि उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

भारतीय तरणाटे आयुष शेट्टी आनी तनवी शर्मा हांणी अमेरिका ओपन बॅडमिंटनांत सर्तींच्या सेमिफीनलीत पावल घाला.

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज सांजे 7 वरांचेर नॉटिंघमात पांच खेळामाळेच्या पयले टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळात भारत इंग्लंडा आड खेळटलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर